भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# बोरो समारीकार



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- M. Maillot; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.


“गुरू! सासणाचें जिवीत मेळोवपाक
हांवें कितें करचें?” हो प्रशन
विचारपी मनीस एक वकील
आशिल्लो, जेजूक फटोवपाचो
यतन करतालो. “देवाचें
कायदे कितें
सांगता?”
जेजून ताका जाप दिली.


“देव आनी शेजाऱ्याचो मोग कर” त्या मनशान म्हणलें.
“पूण म्हजो शेजारी कोण?” ताणें विचारलें.

त्या मनशाच्या प्रस्नाक जाप दिवंक जेजून जेरुसलेम थावन
जेरिकोच्या रस्त्यार वचपी मनशा विशीं एक काणी
सांगली. त्या मनशाचेर
चोरांनी हल्लो केलो.




चोरांनी मेळिल्लें सगळें चोरून घेतलें, अभागी
प्रवाशाचे कपडे लेगीत घेतले. ताका खर जखमी
करून तो रस्त्या कुशीक अर्दवट मेल्लो.


आतां नशीबान एक खाशेलो याजक
थंयच्च्यान आयलो. जखमी मनशाक
तो आदार करतलो हें
खात्रीचें. ना!
त्या मनशाक
रगत येता तें पळोवन तो रस्त्याचे दुसरे वाटेन गेलो.


रोखडेंच पांयांच्या आवाजान दुसऱ्या मनशाच्या लागीं
येवपाची घोशणा केली. तो एक लेवी—देवळांतल्या
याजकांक आदार दिवपी मनीस. तो गेलो आनी
दुख्खी मनशा कडेन पळयलो,
मागीर आदार करिनासतना गेलो.


निमाणें एक सामरी मनीस आयलो. ज्यू लोक
सामरी लोकांचो दुस्वास करताले. जेजूची
काणी आयकपी लोकांक एक सामरी नायक
आसतलो अशी अपेक्षा
करचे ना.
पूण तो आशिल्लो.
समारीतान काळजी घेतली, आनी मजत करपाक थांबलो.

सामरी गुटनियार
बस्लो, अनोळखी मनशाच्या
जखमांचेर वखद आनी
पट्ट्यो हळूच घाल्यो.
मागीर ताणें दुख्खी मनशाक
स्वताच्या गाढवाचेर
बसपाक आदार केलो.



रस्त्या कुशीक आशिल्ल्या सरायांत सामरीन रातभर त्या मनशाची जतनाय घेतली.



सकाळीं ताणें सरायकाराक पयशे दिवन तो परतून बरो जायसर प्रवाशाची जतनाय घेवपाक सांगले.



कथा सोंपली. जेजून विचारलें, “दुख्ख जाल्ल्या मनशाचो शेजारी कोण?”




वकिलान जाप दिली,
“ताचो शेजारी दया करपी
सामरी आशिल्लो.”


“जा, तशेंच कर” जेजून म्हणलें. शेजारी
म्हणल्यार कोणूय गरजेवंत. गरजेवंत
लोकांक मजत करून
आमी मोग दाखोवंक
शकतात. तें देवाक
खोशी करता.

# बोरो समारीकार

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

लूक १०

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16